राज्यपालाकडल्यान गोंयच्या लोकांक दसऱ्याची परबीं

ता. 19 ऑक्टोबर 2026

राज्यपाल श्री. पुसापती अशोक गजपती राजू हांणी दसऱ्याच्या शुभप्रसंगार गोंयच्या सगळ्यां लोकांक मनाकाळजा सावन उर्बेभरीत परबीं आनी शुभकामना भेटयल्यात.

राज्यपाल आपल्या संदेशात म्हणटा, दसरो हो सद्‌गुणांनी वायट प्रवृत्तीचेर, सत्यान कपटी वृत्तीचेर आनी न्याय मार्गान अन्यायाचेर मेळयिल्ल्या जैताचे प्रतिक आसा. दसऱ्याचो उत्सव आमकां आमची समृध्द संस्कृती आनी अध्यात्मिक वारशाच्या सदाकाळ मुल्यांचो उगडास करून दिता आनी सत्य, सदाचार, धैर्य आनी दयेच्या मार्गार चलपाक आमकां प्रेरणा दिता. तशेंच दसऱ्याचो उत्सव सदगूणाच्या शक्तीवयली आमची श्रध्दा आनी आमच्या वैयक्तिक आनी भौशीक जीणेत नैतिक मुल्यांक उचलून धरपाचे म्हत्व वाडयता.

दसऱ्याचो उत्सव समाजा खातीर म्हत्वाचो संदेश घेवन येता. हो उत्सव आमकां नकारात्मक विचार, पक्षपात आनी मतभेदांचेर मात करपाक आनी शांतीकाय, सलोखो, परस्पर आदर आनी समंजस वाडोवपाक प्रोत्साहन दिता. ह्या उत्सवाकडेन संबंदीत तत्वां आनी मुल्यां आमकां सत्याच्या बाजून ठाम रावपाक, आमचे कर्तव्य प्रामाणीकपणान आनी पुर्णतायेन निभावपाक आनी समाजाच्या कल्याणा खातीर सकारात्मक दिश्टीन योगदान दिवपाक प्रेरणा दिता.

आमी हो उत्सव मनयता आसतना, उत्सवाच्या सदाकाळ संदेशातल्यान प्रेरणा घेवया आनी आमचे राज्य आनी राष्ट्राची उदरगत आनी भरभराटी खातीर एकवटान काम करूया. सगळ्यांक न्याय दिवपी , परस्पर आदर करपी आनी समान संदी दिवपी समाजाची सत्याच्या बुन्यादीचेर उभारणी करपाच्या आमच्या प्रयत्नांक दसऱ्याच्या पवित्र भावनेतल्यान मार्गदर्शन मेळू.

ह्या खुशालकायेच्या प्रसंगार आमी प्रत्येकाक शांतीकाय , खुशालकाय, बरी भलायकी आनी समृध्दी खातीर प्रार्थना करूया. दसऱ्याच्या शुभ उत्सवातल्यान आमकां सत्याच्या मार्गार चलपाक, सत्य आनी दयाळूपणाची मुल्यां उचलून धरपाक आनी उज्ज्वल, अदीक शांततापुर्ण आनी सलोख्याच्या भविश्या खातीर एकवटान काम करपाची प्रेरणा मेळू.

म्हा /सप/ / विगां/ 2026/653

--

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,
Government of Goa,
Udyog Bhavan, Third Floor,
Near Azad Maidan,
Panaji – Goa.